# <u>फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर  स्वातंत्र्य दीस मनयलो</u>

ता: 15 ऑगस्ट 2024

कृशी मंत्री श्री रवी नाईक हांणी आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानार आयोजीत स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली. सुरूवातीक कृशीमंत्र्यांन क्रांती मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाक फुलाहार अर्पण करून आदरांजली ओपली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. नाईक हांणी लोकांक स्वातंत्र्य दिनाची परबीं भेटोवन भारत देशाक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपा खातीर  आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली. 15 ऑगस्ट 1947 वर्सा भारत देश ब्रिटीशांच्या सत्तेतल्यान मुक्त जालो आनी देशान उदरगतीच्या मळार नेटान पावलां मारपाक सुरवात केली. पुण भारत स्वतंत्र जावन गोंय 14 वर्सां पोर्तुगिजांच्या अत्याचाराखाला उरले. निमाणे 19 डिसेंबर 1961 गोंय पोर्तुगिजांच्या राजवटीतल्यान मुक्त जावन देशाच्या मुखेल प्रवाहात सामील जाले, अशें तांणी संगलें.

देश आनी राज्याच्या सामाजिक आनी आर्थिक विकासा खातीर लोकांनी एकजूट राखपाची आनी संविधानान दिल्ल्यो जबाबदाऱ्यो निभावपाची गरज उक्तायली. भारतीय संविधानात देशाच्या प्रत्येक नागरिकाच्या कल्याणाची आनी विकासाची खात्री दिल्ली आसा. प्रत्येकांक समान हक्क दिल्ले आसा आनी अभिमानान जीण जगपाचो अधिकार आसा. लोकांनी देश आनी राज्याच्या विकास प्रक्रियेत सहभागी जावन आपले योगदान दिवपाची गरज आसा. आयज गोंय राज्यान विकासाच्या प्रत्येक मळार उत्कृश्ट प्रगती केल्ली आसा आनी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखालच्या केंद्र सरकाराकडल्या राज्याच्या विकासा खातीर भरपूर सहकार्य मेळटा, अशें श्री. नाईक हांणी सांगलें.

ह्या वेळार फोंडा वाठारांतल्या विविध शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचेर गीतां सादर केली.

कार्यक्रमाक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री आनंद  नाईक, 6टीटीआर चे कमांडिग ऑफिसर कर्नल जसविंदर सिंग, स्वातंत्र्य सैनिक, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरंपच, एनआरआय आयुक्त श्री. नरेंद्र सावयकार, सरकारी अधिकारी, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री विशाल कुंडईकर,  हांणी कृशीमंत्र्याक येवकार दिलो. उपजिल्हाधिकारी श्री शुभम नाईक हांणी कृशीमंत्र्याक येवकार दिलो.

श्री. गिरीश वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/413

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.